# मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं गोमंत विभूशण पुरस्कार भेटयतले

ता. 30 मे 2023

गोंय घटक राज्य दिसानिमतान आयज दोनापावला हांगा राजभवनाच्या दरबार हॉलांत आयोजीत सुवाळ्यात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं लोककला क्षेत्रातल्या योगदाना खातीर श्री. विनायक खेडेकर हांकां 2019-20 वर्सा खातीरचो आनी हिंदुस्तानी शास्त्रीय संगीत क्षेत्रातल्या योगदाना खातीर गायक पं. प्रभाकर कारेकर हांका 2020-21 वर्सा खातीरचो "गोमंत विभूशण" पुरस्कार भेटयलो. कला आनी संस्कृती संचालनालयान म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाच्या जोड पालवान सुवाळ्याचें आयोजन केल्ले.

सुरवातीक मुख्यमंत्र्यान श्री. विनायक खेडेकर आनी पं. प्रभाकर कारेकर हांच्या कार्याचेर उजवाड घालपी फोटो प्रदर्शनाचे उक्तावण केले. तशेंच पुस्तकाचेय विमोचन केले.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कला आनी संस्कृती क्षेत्रातल्या विकासा खातीर युवा कलागुणांक प्रोत्साहन दिवपाची गरज व्यक्त करून सरकार कलाकारांच्या योगदानाची योग्य दखल घेता आनी तांकां प्रोत्साहन दिवपा खातीर विंगड विंगड येवजणो राबयता तशेंच पुरस्कार भेटोवन तांचो भोवमान करता, अशें सांगलें.

युवकांनी शिक्षण, कला आनी संस्कृती आनी हेर मळार गुणवत्ता दाखोवन स्वता बरोबरच राज्याकय अभिमान मेळोवन दिवपाची गरज मुख्यमंत्र्यान व्यक्त केली.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी गोंय हे देशांतली सांस्कृतीक राजधानी आशिल्ल्याचें सांगून आपल्या समृध्द कला-संस्कृतीचो वारसो फुडल्या पिळगेखातीर सांबाळून दवरपाची गरज व्यक्त केली. भारतीय संगीतात ताण-तणाव पयस करपाची तांक आसा आनी त्या खातीर मनशान संगीताचो आनंद घेवन तणावमुक्त जीण जगपाचो प्रयत्न करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगलें.

"गोमंत विभूशण" पुरस्कार जैतवंत श्री. विनायक खेडेकर आनी पं. प्रभाकर कारेकर हांणी सरकाराविशीं कृतज्ञताय व्यक्त केली. श्री. विनायक खेडेकर हांच्या मानपत्राचे वाचन डॉ. अजय वैद्य जाल्यार पं. प्रभाकर कारेकर हांच्या मानपत्राचे वाचन डॉ. पांडुरंग फळदेसाय हांणी केले.

सुवाळ्याक येरादारी मंत्री मॉविन गुदिन्हो, उदकास्त्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकर, नुस्तेमारी वेवसाय मंत्री निळकंठ हळर्णकर, आमदार दिगंबर कामत, मुखेल सचीव पुनीत कुमार गोयल, कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक सगुण वेळीप, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक दीपक बांदेकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्लें.

सुरवातीक कला आनी संस्कृती सचीव मिनीनो डिसौजा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी निमाणे म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव सुभाष चंद्रा हांणी उपकार मानले. सिध्दी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/449

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.